# <u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं</u>

ता. 23 ऑक्टोबर 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो म्हळ्यार विजयादशमी, जो हिंदुचो एक म्हत्वाचो उत्सव आसा आनी दसऱ्याच्या उत्सवान बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण मनोवपात येवपी नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. भगवान श्री रामान रावणाचेर आनी देवी दुर्गा मातेन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण हो दीस मनयतात.

दसऱ्याचो उत्सव आमकां धर्म (न्याय्य) आनी सत्याच्या मार्गान चलपाची प्रेरणा दिता. सद्‌गुणांचो वायट प्रवृत्तीचेर सदाच विजय आसता, हाचो आमकां उगडास करून दिता. हो उत्सव आमची राष्ट्रीय एकात्मता मजबूत करता आनी विविधतेत एकता ह्या संकल्पनेतल्या आमच्या एकनिश्ठ भावनेची गवाय दिता.

ह्या शुभ प्रसंगार आमी आमच्या समाजात मोग, दया, करूणा आनी सहिष्णूतायेच्या मुल्यांक प्रोत्साहन दिवपाक स्वता समर्पित जावपाचो सोपूत घेवया, जे ह्या उत्सवाचे तत्व आसा.

ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव गोंयच्या लोकांक खुशालकाय, भरभराट आनी शांतीकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/830

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.